## शालेय शिक्षणाच्या  नवीन राज्य अभ्यासक्रम आराखड्या वयल्या राष्ट्रीय चर्चासत्राचें उक्तावण

ता. 5  डिसेंबर 2024

गोंय राज्य शिक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान 'शालेय शिक्षणातल्या परिवर्तना खातीर नवीन राज्य अभ्यासक्रम आराखडो, ह्या  विशयाचेर आयोजीत दोन दिसांच्या राष्ट्रीय चर्चासत्राचे उक्तावण आयज दरबार हॉल,  राजभवन दोनापावला हांगा जाले.

केंद्र सरकारच्या शिक्षण मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचीव श्री आनंदराव पाटील, गोंय सरकारचे शिक्षण सचीव  श्री प्रसाद लोलयेकर, राष्ट्रीय शिक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाचे संचालक प्रा.  दिनेश प्रसाद सकलानी, कुलगुरू (NIEPA) प्रा.  शशिकला वंजारी, शिक्षण संचालक श्री शैलेश झिंगडे, गोंय राज्य शिक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाच्यो संचालक श्रीमती मेघना शेटगावकर  आनी हेर मानेस्त चर्चासत्राच्या उक्तावण कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना शिक्षण मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचीव श्री आनंदराव पाटील हांणी सांगलें,  समाजातल्या निमाण्या विद्यार्थ्या मेरेन दर्जेदार शिक्षण उपलब्ध करून दिवपा खातीर सरकारचे प्रयत्न आसून त्या खातीर वेगळ्या वेगळ्या डिजिटल माध्यमांचो वापर करपात येता. तशेंच अध्यापनात तंत्रज्ञानाचो वापर करपा खातीर शिक्षकांक प्रशिक्षण दितात. तांणी ऑटोमेटेड परमनंट ॲकॅडमिक अकाउंट रजिस्ट्री (APAAR) आयडी सिस्टीमच्या अंमलबजावणी विशी म्हायती दितना विद्यार्थ्यांची शाळांतली नावनोंदणी सगल्या  विद्यार्थ्यांच्यो शिक्षणीक नोंदणी आनी हेर नोंदी वेवस्थित दवरपा खातीर पोर्टल  डिजायन केल्ल्याचे सांगलें.

श्री प्रसाद लोलयेकर हांणी राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या  अंमलबजावणी खातीर राज्य सरकारन सुरू केल्ल्या उपक्रमांची म्हायती दितना दोन टास्क फोर्स, एक शालेय शिक्षण आनी एक उच्च शिक्षणा खातीर समित्यांची  स्थापणूक केल्ल्याचे सांगलें.  राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाचो लक्षात दवरून  दर्जेदार शिक्षण, प्रवेश प्रक्रिया,  शिक्षणात समानताय अशा गजालींचेर  लक्ष केंद्रित केल्लें आसा.  विशेश भुरग्यां खातीर फुडल्या वर्सा सावन राष्ट्रीय शिक्षण धोरण लागू करतले,  अशेंय तांणी सांगलें.

एनसीईआरटी, नवी दिल्लीचे संचालक प्रा.  दिनेश प्रसाद सकलानी हांणी राष्ट्रीय शिक्षण धोरण हे भुरग्यांचो   सर्वांगीण विकास करपाच्या उद्देशान तयार केल्ल्याचे सांगलें.   एनईपीच्या अंमलबजावणीचे मुळावे टप्पे म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगून हे धोरण यशस्वी करपा खातीर लोकांचो  सहभाग खूप म्हत्त्वाचो आसा,  अशें तांणी सांगलें.

सुरवातीक गोंय राज्य शिक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाच्यो संचालक श्रीमती मेघना शेटगावकर  हांणी येवकाराचे उलवप केले.

म्हा /सप/    / विगां/ 2024/670

--

----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.